# AKASHWANI PANAJI NATIONAL NEWS 6.30 PM 17TH AUGUST 2026

Shahzad Bhatti Network

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी स्वातंत्र्या दिसा आदीं सुरक्षा दळान ISI च्याआदारान आशिल्लें शहजाद भट्टी che आतंकवादी जाळें मोडून विध्वंसक हल्ल्याची येवजण मोडित काडल्या अशें सांगलें. 14 राज्यांतल्या समन्वयात्मक कारवायांनी 200 परस चड जाणक अटक केल्या. सुरक्षा दळान, पाकिस्तान कारखान्याचे आशिल्ले ग्रेनेड, पिस्तूल, लायव्ह कार्टुज आनी गुप्तचर करपा खातीर वापरिल्ले सीसीटीव्ही कॅमेरे मेळयले. आतंकवादाचेर भारताची शून्य सहिश्णुताय आशिल्ली पद्दत दिसून येता अशें मंत्री शाहा हाणी सांगलें

Nirmala 94

विकसित भारताचे सपन साकार करपा खातीर सरकार बँकींग विशीं समिती तयार करतलें. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज नवी दिल्लींत दोन दिसांच्या भौशीक क्षेत्र बँकेच्या परिशदेचें उक्तावण केल्या उपरांत अशें सांगलें. समिती प्रस्न आनी शिफारशी घेवन बँकींग सुदारणांचो फुडाराचो मार्ग थारायतली अशें तांणी सांगलें. दोन दिसांच्या ह्या परिशदेंत भौशीक क्षेत्रांतल्या बँको आनी भौशीक अर्थीक संस्थांच्या फुडारपणाक एकठांय हाडून मुखेल प्राधान्यां, वेगवेगळ्यो संदी आनी बँकींग आनी अर्थीक क्षेत्रांतल्या विकसीत जावपी मुद्द्यांचेर विचार केला.

Higher Education Exam Reforms

शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी आयज राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी कडेन स्थापन केल्ल्या परिक्षेच्या प्रोटोकॉलांचें खरपणान पालन करपाचो आनी गुप्त कार्यावळींचेर सुदारणा करपाचे निर्देश दिलयात . परिक्षा प्रक्रियांचें व्यापक लेखापरीक्षण आनी दुरुस्ती अहवाल सादर करपाचें निर्देश तांणी दिलें. धा वेवसायीक फुडारपणाच्या पदांची जायरात केल्या, जाल्यार सायबर सुरक्षा, प्रस्न-पत्रिका आराखडो आनी हेर खाशेल्या मुद्या खातीर हेर उपक्रम चालिक लावपाचें काम सुरु आसा.

Dalela 109

विदेश वेव्हार मंत्रालयांतले सचीव सुधाकर डालेला हांणी आयज , ब्रिक्साच्या अध्यक्षपदाच्या काळांत भारतान ब्रिक्साच्या सहकार्याचेर लोक केंद्रीत आनी योग्य पद्दतीन मार्गदर्शन करून लोकांक सामुहीक यत्नांच्या केंद्रांत दवरल्यात . नवी दिल्लींत ब्रिक्स सिव्हिल फोरमात उलोवप करतना तांणी हें सांगले .शारांनी तीनशें पन्नास वयर बसका घेतल्यो , जाका लागून वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्यान बरे परिणाम मेळ्ळयात अशें तांणी उक्तायलें. ह्या वावराक लागून ब्रिक्साच्या तिनूय बुन्यादी खांब्यां मदलो सहकार घटमूट जाला अशें तांणी सांगलें. ब्रिक्स संवाद आनी उदरगती खातीर एक रचनात्मक माची थारल्या.

STAMPEDE

बिहाराच्या Lakhisarai जिल्ह्यांतल्या अशोक धाम देवळांत आयज चिद्दचिड्डीत सात बायलांक मरण आयलें आनी धा परस चड जाण जखमी जाल्यात . श्रावणाच्या तिसऱ्या सोमारा जलाभिशेका खातीर व्हड गर्दी जावन हि घडणूक घडली. अशोक धाम स्टेशन सावन देवळा मेरेनच्या मार्गाचेर ही चिद्द चिड्डी जाली. जखमीं जाल्या लोकांक पाटणा मेडिकल कॉलेज हॉस्पिटलांत व्हेल्यात. मुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हांणी ह्या घडणुकेत दरेका मरण आयिल्ल्याचा कुटुंबाक खातीर चार लाख रुपयाची घोशणा केली. ह्या दुखेस्त घडणुकेंत मरण आयिल्ल्याचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी दुख्ख उक्तायलां.

India’s First Virtual Zoo

भारताचो पयलो आभासी प्राणीसंग्रहालय मध्य प्रदेशांतल्या इंदौरांत सुरू जाला आनी तेच बरोबर इंदूर प्राणीसंग्रहालयांत सिनेमा थिएटर आनी आभासी जंगल सफारी सुरू जाल्या. भौशीक-खाजगी भागीदारी खाला सुमार साडेचार रुपया खर्च करून विकसीत केल्ल्या ह्या सुविधांनी तंत्रगिन्यानाचो वापर करून भोंवडेकारांक रानां आनी रानवटी जनावरांचो अणभव मेळटा.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगाल आनी ओडिशात ऊटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला आनी रेड अलर्ट जारी केला.

SPORTS

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारतीय गोलंदाजांनी Galle हांगा जाल्ले पयले कसोटीच्या तिसऱ्या दिसा 178 धांवड्यांनी आघाडी घेतली .